11th August 2026

8.40am

मुखेल खबरो

ई-व्हिसाधारक विदेशी नागरिकांक भारतात प्रवेश मेळोवन दिवपाक, सरकारान आनीक इकरा आंतरराष्ट्रीय पोर्ट्सांक मान्यताय दिल्या.

झारखंडांतलो विद्यार्थी फुडारी देवेंद्र नाथ महतो हांची, विधानसभा निशेधा वेळार भलायकी इबाडिल्ल्यान, ताका रांचीच्या हॉस्पिटलांत दाखल केला. भाजपान आयज राज्यभर बंदचो उलो मारला.

अस्तंत कोलंबियांत 7.4 तीव्रतेच्या भूंयकांपाक लागून, मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो 132चेर पावला. हेर 570 परस चड जाण जखमी जाल्यात.

नायजेरियात सुरू जाल्या कॉमनवेल्थ तलवारबाजी चॅम्पियनशिपात भारतान पयल्याच दिसा चार भंगरा पदकां सयत, एकूण १७ पदका जोडली.

भारतीय हवामान खात्यान आयज राजस्थान आनी अस्तंत मध्य प्रदेशांत घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तावन रेड अलर्ट जारी केला.

E- Visa Ports -

ई-व्हिसाधारक विदेशी नागरिकांक भारतात प्रवेश मेळोवन दिवपाक, सरकारान आनीक इकरा आंतरराष्ट्रीय प्रवेशद्वार म्हळ्यार पोर्ट्सांक मान्यताय दिल्या. हातुंत णव भू-मार्ग (land ports) आणि दोन विमानतळ आसपावता, अशे गृह मंत्रालयान सांगले. हातुंत भोपाळ आणि तिरुपती हांगचे विमानतळ, तशेच अटारी आणि आगरतळा हांगाचे भू-मार्ग आसपावता. या अतिरिक्त प्रवेशद्वाराक लागुन ई-व्हिसाची उपयुक्तता आणि आकर्षण अधिक वाडतले, अशे मंत्रालयान नमूद केले. तशेच, भारत ई-व्हिसाखातीरच्या सुमार ९५ टक्के अर्जांचेर, ७२ वरां भितर कार्यवाही पुराय करता, अशी म्हायती मंत्रालयान दिली.

Scholarship Chauhan -

कृषी आणि शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान हाणी नवी दिल्लीत 'नॅशनल स्कॉलरशिप पोर्टल' (NSP) वरवी, देशभरातल्या कृषी विद्यार्थ्यां खातीर शिष्यवृत्ती आणि फेलोशिपचो निधी वितरित केलो. या उपक्रमांतर्गत, ६ हजारांपरस चड विद्यार्थ्यांक 'डायरेक्ट बेनिफिट ट्रान्सफर' (DBT) प्रणाली वरवी थेट एकूण, २१ कोटी रुपयां परस चड

रक्कम मेळली. या  उपक्रमान कृषी विद्यार्थ्यांक आता त्यांची शिष्यवृत्ती दर म्हयन्याक, थेट DBT वरवी मेळटली, जाका लागुन तांका वेळार आणि कसल्याच अडचणीशिवाय आर्थिक मदत मेळप, सुनिश्चित जातले. हे वेळार उलयताना  चौहान हाणी म्हणले की, शिष्यवृत्ती हे फक्त आर्थिक मदतीचे साधन नासून, कृषी शिक्षण बळकट करपाचे आणि ताका प्रत्यक्ष शिक्षण आनी चड संधींकडे जोडपाचे एक महत्त्वाचे माध्यम आसा. मंत्र्यांनी नमूद केले की, वेळार मेळपी आर्थिक मदतीक लागुन, विद्यार्थ्यांक शिक्षणाचेर चड प्रभावीपणान लक्ष केंद्रित करप, शक्य जातले.

झारखंड निशेध -

JPSC आनी JSSC परिक्षा अनियमिततेक लागून, झारखंडांतल्या विद्यार्थ्यांचे आंदोलन काल सुमार धा वरां सुरूच आशिल्ले. कालच्या विधानसभा घेराव प्रकरणात, पुलिस कारवाय करपा आड, भाजपान आयज राज्यभर बंद करपाचो उलो मारला. फाटले णव दीस उपास करपी, विद्यार्थी फुडारी देवेंद्र नाथ महतो हांची, विधानसभा निशेधा वेळार भलायकी इबाडिल्ल्यान, ताका रांचीच्या  हॉस्पिटलांत दाखल केला. निशेध करपी विद्यार्थ्यां आड चड बळग्याचो वापर केल्ल्याचो आरोप करून, सीबीआय चवकशी करपाची मागणी परतून करून, भाजपान आयज राज्यभर बंद दवरला.

संसद आयज -

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज केरळ (नांव बदल) विधेयक, 2026 आनी राष्ट्रीय सहकारी उदरगत म्हामंडळ (दुरुस्ती) विधेयक, 2026 लोकसभेंत चर्चा आनी संमत करपा खातीर मांडपाचे आसात. केरळ राज्याचें नांव बदलपाचो यत्न करपी विधेयकाचेर, विचार करपा खातीर मंत्री शाह प्रस्ताव मांडटले. तशेंच राष्ट्रीय सहकारी उदरगत म्हामंडळ (दुरुस्ती) विधेयक, 2026 मांडटले, जें राष्ट्रीय सहकारी उदरगत म्हामंडळ कायदो, 1962त आनीक दुरुस्ती करपाचो यत्न करता. राज्यसभा न्यायालयीन सुदारणा विधेयक, 2026 विचारा आनी संमत करपा खातीर घेवपाचे आसात. कायदो आनी न्याय राज्यमंत्री अर्जुन राम मेघवाल हे विधेयक मांडटले. ह्या कायद्यांत राष्ट्रीय न्यायाधिकरण आयोग, स्थापन करपाचो प्रस्ताव आसा.

Goyal GEM -

'गव्हर्नमेंट ई-मार्केटप्लेस' (GeM) हे योग्य दर्जाचे आणि योग्य किंमतीचे उत्पादन, योग्य वेळार खरेदी करपाचे प्रतिबिंब आसा, अशे वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पीयूष गोयल

हाणी म्हळां. नवी दिल्लीत काल आयोजित GeMच्या १०व्या स्थापना दिसानिमित्त ते उलयताले. GeM सुरू जावपा आदी भौशिक पैशांचो गैरवापर जातालो, तशेच खरेदी प्रक्रिया पारदर्शक नाशिल्ली. आज भौशिक खरेदी ही एका ई-कॉमर्स प्लॅटफॉर्मा वरवी जाता, जय नोंदणी आदीच पारदर्शकता, स्पर्धात्मकता आणि उच्च दर्जाची मानकां राखतात, हाचेर तांणी भर दिलो. GeM हो भौशिक खरेदी प्रक्रिया डिजिटल करपाचो एक यत्न आसा, अशेय मंत्री गोयल हाणी सांगले.

Biotechnology Jitendra Singh –

विज्ञान आणि तंत्रज्ञान मंत्री, डॉ. जितेंद्र सिंह हाणी जैवतंत्रज्ञान आणि जीवन विज्ञान क्षेत्रातली, स्वदेशी उत्पादनां आनी तंत्रज्ञानाक प्रोत्साहन दिवपाक, उद्योगाची पकड मजबूत करपाक, भारताच्या जैवतंत्रज्ञान परिसंस्थेमदी खाजगी क्षेत्राचो सहभाग वाडोवपाचे आवाहन केला. नवी दिल्लीत बायो-टेक्नॉलॉजी इंडस्ट्री रिसर्च असिस्टन्स कौन्सिलच्या वरिष्ठ अधिकाऱ्यां वांगडा जाल्या बसके वेळार, ताणी हे आवाहन केले.

कोलंबिया भूंयकांप -

अस्तंत कोलंबियांत सोमारा आयिल्ल्या, 7.4 तीव्रतेच्या भूंयकांपाक लागून, मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो 132चेर पावला आनी हेर 570 परस चड जाण जखमी जाल्यात. अमेरिकेच्या भूवैज्ञानिक सर्वेक्षणाच्या म्हणण्या प्रमाण, सोमारा हो भूंयकांप जालो. ह्या भूंयकांपाक लागून शेंकड्यांनी इमारतींचें लुकसाण जालें. बचाव पंगड आनी थळाव्या लोकांनी सोद कारवाय सुरु केली. कोलंबियाचे राष्ट्राध्यक्ष आबे-लार्डो द ला एस्प्रिएला हांणी, आदार आनी निधी बेगीन मेळोवपा खातीर आणीबाणी जाहीर केली. बाधितांक सरकार शक्य तितली मजत करतले, अशें तांणी सांगलें. फाटल्या दशकांत, कोलंबियांत आयिल्लो हो सगळ्यांत चड बळिश्ट भूंयकांप आशिल्ल्याचे, अधिकाऱ्यांनी सांगलां.

Rijiju Sansad -

संसदीय कामकाज मंत्री किरेन रिजिजू हाणी सांगले की, विद्यार्थ्यांच्या आंदोलनाकडे संबंधित मुद्द्याचेर, सविस्तर चर्चा आणि ताचेर जाप दिवपाक सरकार तयार आसा. दनपारा दोन वरांचेर, दुसरे फावट कामकाज स्थगित जाले उपरांत लोकसभेचे कामकाज परत सुरू झाले, तेन्ना रिजिजू हांणी म्हणाले की, केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह या मुद्द्यावेल्या चर्चेक सविस्तर जाप दिवपाक सज्ज आसात. काँग्रेस आणि विरोधी पक्ष

फुडारी राहुल गांधी या मुद्द्यार, गृहमंत्र्यांच्या निवेदनाची मागणी करताले, अशे ताणी म्हणाले.

कॉमनवेल्थ sports -

नायजेरियातल्या लागोस हांगा सुरू जाल्या कॉमनवेल्थ फेन्सिंग चॅम्पियनशिपात भारतान दमदार सुरुवात केली आनी, पयल्याच दिसा चार भंगरा पदकां सयत एकूण १७ पदका जिंकली. आयतारा सुरू जाल्या या स्पर्धेत, भारतीय पंगडान चार भांगरा, चार रुप्यां आणि णव कांस्यपदका जोडिल्ली. चॅम्पियनशिपाच्या उरिल्ल्या सर्तींनी, आपल्या बळिश्ट कामगिरीन पदका जोडपाक, भारतीय पंगड यत्न करतलो.

हवामान -

भारतीय हवामान खात्यान आयज राजस्थान आनी अस्तंत मध्य प्रदेशांत घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तावन रेड अलर्ट जारी केला. फुडले दोन दीस गुजरात, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशात लेगीत मोठ्या प्रमाणात पावस पडपाचो अदमास आसा. मजगती, उत्तर आणि दक्षिण गोयात काय सुवातानी, हलको ते मध्यम प्रमाणात पावस आणि वराक 30 ते ४० किलो मीटर नेटान वारे व्हावपाची शक्यता आसा. तशेच, गोयात काय सुवातानी पावसाचो नेट वाढपाची शक्यता, गोंय वेधशाळेन उक्तायल्या.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

ई-व्हिसाधारक विदेशी नागरिकांक भारतात प्रवेश मेळोवन दिवपाक, सरकारान आनीक इकरा आंतरराष्ट्रीय पोर्ट्सांक मान्यताय दिल्या.

झारखंडांतलो विद्यार्थी फुडारी देवेंद्र नाथ महतो हांची, विधानसभा निशेधा वेळार भलायकी इबाडिल्ल्यान, ताका रांचीच्या हॉस्पिटलांत दाखल केला. भाजपान आयज राज्यभर बंदचो उलो मारला.

अस्तंत कोलंबियांत 7.4 तीव्रतेच्या भूंयकांपाक लागून, मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो 132चेर पावला. हेर 570 परस चड जाण जखमी जाल्यात.

नायजेरियात सुरू जाल्या कॉमनवेल्थ फेन्सिंग चॅम्पियनशिपात भारतान पयल्याच दिसा चार भंगरा पदकां सयत, एकूण १७ पदका जोडली.

भारतीय हवामान खात्यान आयज राजस्थान आनी अस्तंत मध्य प्रदेशांत घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तावन रेड अलर्ट जारी केला.

-------------